*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**सचिवालयांत एकता दीस पाळ्ळो**

ता. 31 ऑक्टोबर 2019

आयज पर्वरे सचिवालयांत राष्ट्रीय एकता दीस पाळ्ळो. मुख्य सचीव श्री. परिमल राय हांणी सचिवालयांतले अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यांक राष्ट्रीय एकता दीसाचो सोपूत दिलो. प्रधान सचीव (वीज) श्री. पुनित कुमार गोयल हे ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार सर्गेस्त प्रधानमंत्री इंदिरा गांधी हांच्या पुण्यतिथी निमतान राष्ट्रीय संकल्प दीसय पाळ्ळो.

भारताचे पयले उपप्रधानमंत्री सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंती दीसा देशात राष्ट्रीय एकता दीस पाळटात. वल्लभभाई पटेल हांका भारताचे लोह पुरूष म्हुण वळखतात. देशाच्या एकतेखातीर तांचे म्हत्वाचे योगदान आसा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/759